**दावत बासमती तांदळाविशीं अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयाचो खुलासो**

ता. 06 जानेवारी 2022

दावत बासमती तांदळांनी कीटकनाशकांचो अवशेश सापडिल्ल्या बातमी विशीं अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान सकयले प्रमाण खुलासो केला-

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान अन्न सुरक्षा आनी मानक कायदो 2006 खालच्या प्रक्रियेप्रमाण अधिसूचित प्रयोगशाळांनी तपासणी/ विश्लेशण केल्ल्या 4 नमुन्यांमदले फकत 2 नमुने " **नेमांचे पालन करीना**" असो अहवाल दिल्लो. ह्या नमुन्यांची तपासणी जुन 2021 त केल्ली आनी उपरांत कंपनीन थळाव्या बाजारांतल्यान सगळो स्टॉक परतो घेतलो आनी देखून वयर नमूद केल्ल्या बॅच क्रमांकाचो स्टॉक बाजारांत उपलब्ध ना.

अन्न सुरक्षा आनी मानक कायदो 2006 खालच्या तजवीजेप्रमाण हे बाबतीत फुडलीं चवकशी चालू आसा.

त्या खातीर अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान सामान्य लोकांक कळीत केला की बॅच क्रमांक (A1) 60017014 चो दावत परंपरीक बासमती आनी बॅच क्रमांक (A1) 60016202 चो दावत पुलाव बासमती तांदळाचो स्टॉक उकत्या बाजारांत उपलब्ध ना.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/24

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji